Panaji National 16th April 2025 8.40am

- भारत आणि अमेरिका या आठवड्यात द्विपक्षीय व्यापार कराराचेर चर्चा करतली. द्विपक्षीय वेपार कराराच्या पयल्या भागाच्या संदर्भ अटीचेर स्वाक्षरी केल्या.

- संसदेन संमत केल्ल्या वक्फ दुरुस्ती कायद्याचेर पाकिस्तानान केल्ली निराधार टिप्पणी भारतान खरपणान न्हयकारल्या. भारताच्या अंतर्गत बाबींचेर पाकिस्तानाक टिप्पणी करपाक कसलोच अधिकार ना अशे म्हळां.

- नॅशनल हेराल्ड दिसाळ्या संबंदीत मनी लॉंड्रिंग प्रकरणात अंमलबजावणी संचालनालयान कॉंग्रेस फुडारी सोनिया गांधी, राहुल गांधी आनी हेरा आड आरोपपत्र दाखल केलां.

- अंदू जून ते सप्टेंबर मेरेन नैऋत्य मॉन्सून सामान्या परस चड आसपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

- आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं जाल्ल्या खेळांत पंजाब किंग्सान कोलकाता नाइट रायडर्साक 16 धांवड्यांनी हारयलो.

India USA – 100

भारत आणि अमेरिका या आठवड्यात द्विपक्षीय वेपार कराराचेर चर्चा जातली. दोनूय देशांनी काल द्विपक्षीय वेपार कराराच्या पयल्या भागाच्या संदर्भ अटीचेर स्वाक्षरी केल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना वाणिज्य आनी उद्देग सचीव सुनील बार्थवाल हांणी सांगलें, दोनूय वटांनी परस्पर फायदेशीर, बहुक्षेत्रीय द्विपक्षीय वेपार करार करपा संदर्भात व्यापक एकमत जाला.

भारताचो अमेरिके बरोबरचो वेपार वाडून फुडल्या पांच वर्सांत 500 अब्ज डॉलर मेरेन पावपाचो अदमास आसा अशे, बार्थवाल हांणी सांगलें, सध्याच्या शुल्काच्या बाबतीत भारता खातीर हुस्को आनी संदी दोनूय आसात. पूण देशान वेपार

उदारीकरणाचो मार्ग आपणायला अशे तांणी म्हळें. ह्या मार्गाक लागून दोनूय देशांक जायत्यो संदी मेळटल्यो अशेंय तांणी सांगलें.

INDIA - PAKISTAN WAQF - 60

संसदेन संमत केल्ल्या वक्फ दुरुस्ती कायद्याचेर पाकिस्तानान केल्ली निराधार टिप्पणी भारतान खरपणान न्हयकारल्या. वक्फ विधेयकाचेर पाकिस्तानान केल्ल्या टिप्पण्यां संबंदी मिडियान केल्ल्या प्रस्नांक जाप दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सांगलें, भारताच्या अंतर्गत बाबींचेर पाकिस्तानाक टिप्पणी करपाक कसलोच अधिकार ना.

अल्पसंख्याकांच्या हक्कांचे रक्षण करपाच्या बाबतीत पाकिस्तानान हेरांक उपदेश करचे परस स्वताचो स्वतःच्या वाईट रिकॉर्ड कडे पळोवपाक अशे तांणी सांगले.

PM Denmark – 130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल डेन्मार्कच्यो प्रधानमंत्री मेटे फ्रेडरिक्सन हांचेकडेन चर्चा केली. दूरध्वनी वेल्या संवादा वेळार दोनूय फुडाऱ्यांनी भारत-डेनमार्क हरित धोरणात्मक भागीदारीक मजबूत पाठिंबो दिवपाचो पुनरुच्चार केला. दोनूय देशांतल्या लोकांच्या फायद्या खातीर वेगवेगळ्या मळार सहकार वाडोवपाचेर चर्चा जाली.

2020 वर्सा हरित धोरणात्मक भागीदारी सुरू जाले सावन दोनूय देशां मदीं जाल्ल्या उंचेल्या पांवड्यावेल्या आदान-प्रदानाची याद दोनूय फुडाऱ्यांनी केली आनी वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी ताचो विस्तार जाल्ल्याची नोंद केली. हे भागीदारी वरवीं भारतान हरित संक्रमणांत योगदान दिवपा खातीर डॅनीश गुंतवणुकीं खातीर अनुकूल परिस्थिती निर्माण केल्या. मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां, तांणी आनी फ्रेडरिकसन हांणी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक घडामोडींचेरूय चर्चा केली.

या वर्साचे अखेरेक नॉर्वेत जावपा आशिल्ल्या तिसऱ्या भारत-नॉर्डिक शिखर परिषदेत वांटो घेवपाखातीर आणि त्या वेळार प्रधानमंत्री फ्रेडरिक्सन हांका

भेटपाखातीर उत्सुक आशिल्ल्याचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी ह्या वेळार नमूद केले.

ED – 55

नॅशनल हेराल्ड दिसाळ्या संबंदीत मनी लाँड्रिंग प्रकरणात अंमलबजावणी संचालनालयान दिल्लीच्या राऊस ॲव्हेन्यू न्यायालयांत काँग्रेस फुडारी सोनिया गांधी आनी राहुल गांधी हांचे आड आरोपपत्र दाखल केलां. तशेंच ह्या आरोपपत्रांत काँग्रेसीचे ओव्हरसीज मुखेल सॅम पित्रोदा, सुमन दुबे आनी हेरांची नांवां आसात. विशेषखास न्यायाधीश विशाल गोगणे हाणी या प्रकरणाच्या फुडल्या सुनावणीखातीर या महिन्याची २५ तारीख निश्चित केल्या.

Cong BJP – 70

नॅशनल हेराल्ड मनी लाँड्रिंग प्रकरणात सोनिया गांधी आनी राहुल गांधी हांचे आड अंमलबजावणी संचालनालयानच्या आरोपपत्राचेर प्रतिक्रिया दितना काँग्रेसीन संचालनालयाची ही कारवाई ही सूडाचे राजकारण आसा असो आरोप केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत पक्षाचे सरचिटणीस जयराम रमेश हांणी हे कृतीचेर टिका केल्या. हाचेर प्रतिक्रिया दितना भाजपा प्रवक्ते नलीन कोहली हांणी आकाशवाणी न्यूजा कडेन उलयतना सांगलें, ईडीच्या कारवाईक फक्त सूडाचे राजकारण म्हणून संबोधल्यान या प्रकरणाची चवकशी सुरू आसा हें न्हयकारूंक जायना.

ED Vadra – 35

हरियाणांतल्या जमनीच्या वेव्हारा कडेन संबंदीत मनी लाँड्रिंग चवकशेच्या संदर्भात अंमलबजावणी संचालनालयान काल रॉबर्ट वाड्रा हांची चवकशी केली. वाड्रा हांच्या कंपनीन गुरुग्रामांत जमीन खरेदी करपा कडेन ही केस संबंदीत आसा. तपास यंत्रणेन तांका आजूय परत चौकशीखातीर आपयल्या.

CPI – 95

अन्नधान्याच्या दरांत व्हड प्रमाणात घट जाल्ल्यान फाटल्या म्हयन्यांतभारतातली  किरकोळ महागांय दर ३.३४ टक्क्यांचेर आयलो. ऑगस्ट 2019 उपरांत  हो  वर्स -दर-वर्स आधाराचेर सगळ्यांत उणो चलनवाढीचो दर आशिल्ल्याचे सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयान म्हळां.

गांवगिऱ्या वाठारांनी चलनवाड 3.25 टक्के आनी शारी वाठारांनी 3.43 टक्के आशिल्ली. अखिल भारतीय गिरायक अन्न दर निर्देशांका प्रमाण, मार्चांत अन्नधान्याच्या चलनवाडीचें दर  तात्पुरत्या स्वरूपात 2.69 टक्क्यांनी नोंद जालां, जें फेब्रुवारींत नोंद जाल्ल्या 3.75 टक्क्यां परस उणें आसा.

मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण मार्च म्हयन्यांत एकंदर चलनवाड आनी अन्नधान्याच्या चलनवाडींत हो घट मुखेलपणान भाजीपालो, तांतयां, दाळ, मांस आनी नुस्तें, कड्डणां आनी दुदाचे पदार्थ हांचे दर देंविल्ल्यान जाला.

MAHA GOVT IBM MOU - 140

एआय वरवीं प्रशासकीय परिवर्तना खातीर महाराष्ट्र सरकार आनी आयबीएम टेक्नॉलॉजी (भारत) हांचे मदीं काल मुंबयत राज्य सचिवालयांत मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आनी अजीत पवार हांच्या हाजिरेंत समजिकायेच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी जाली. ह्या करारा प्रमाण मुंबय, पुणे आनी नागपूर सयत राज्यांत 3 आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) केंद्रां स्थापन करतले. आर्टिफिशियल इंटेलिजेंस (एआय), हायब्रिड क्लाउड, डेटा ॲनालिटिक्स, सायबर सुरक्षा आणि ऑटोमेशन यासारख्या आधुनिक तंत्रज्ञानाचो वापर करून सार्वजनिक सेवा वितरण आणि प्रशासकीय कार्यक्षमता वाडोवप हो या कबलातीचो उद्देश आसा.

मुखेलमंत्र्यांच्या कार्यालयाच्या म्हणण्याप्रमाण, AI enabled virtual assistants आनी agentic AI च्या मदतीन सरकारी सेवा सोपी, जलद आणि अधिक आनीकूय वैयक्तिकृत करतले. महाराष्ट्र सरकारच्या मालकीच्या डेटाचेर तयार केलल्या एआय मॉडेल्सची मालकी सरकार दवरतले, जाका लागून सरकाराक या तंत्रज्ञानाचेर पूराय नियंत्रण मेळटलें अशे मुखार म्हळां.

ह्या करारा खाला आयबीएमच्या शिक्षणीक आनी प्रशिक्षण प्लॅटफॉर्माच्या आदारान सरकारी कर्मचारी आनी विद्यार्थ्यांक एआय, सायबर सुरक्षा आनी क्लाउड तंत्रगिन्यानाचे प्रशिक्षण दितले.

IMD Monsoon – 80

अंदूं जून ते सप्टेंबर मेरेन नैऋत्य मॉन्सून सामान्या परस चड आसपाची शक्यताय IMD म्हळ्यार भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ईशान्य, वायव्य आनी दक्षिण व्दीपकल्प भारतांतले कांय वाठार सोडल्यार देशांतल्या चडशा वाठारांनी मान्सून सामान्या परस चड आसतलो अशें हवामान खात्याचे महासंचालक डॉ.मृत्युंजय महापात्रा हांणी काल नवी दिल्लींत मीडियाक माहिती दितना सांगलें.

पृथ्वी विज्ञान मंत्रालयाचे सचिव डॉ. एम. रविचंद्रन हाणी आकाशवाणी न्यूसाक दिल्ल्या खासा मुलाखतीत सांगले की, फाटल्या वर्साच्या तुळेंत अंदु वर्सा मे आणि जूनात चड दिस उष्णतेची तीव्र परिस्थिती आसतली.

IMD – 70

फुडल्या दोन दिसांत राजस्थान आनी गुजरातांत कालोराच्या ल्हारांचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे आनी कर्नाटकाच्या दर्यादेगेर आयज कालोर आनी दमट परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3 ते 4 दिसांत उत्तर, ईशान्य आनी उदेंत भारतांत गडगड, जोगला मारून आनी वादळी वाऱ्या सयत हलको ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. उत्तर आनी दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, आंध्र प्रदेशच्या दर्यादेगेर,यनम, केरळ आनी माहे हांगाय अशीच परिस्थिती आसूं येता.

IPL – 100

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान कोलकाता नाईट रायडर्स पंगडाक १६ धावंड्यांनी हारयले. काल राती चंदीगडातल्या महाराजा यादविंद्र सिंग आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमात हो खेळ जालो. पयली फलंदाजी करताना पंजाब किंग्ज पंगडान १५.३ षटकांत १११ धावंड्यो केल्ल्यो. प्रभसिमरन सिंग हांणे ३० धावंड्यो केल्यो. उपरांत पंजाब किंग्ज पंगडान दिल्ले ११२ धावंड्यांचे मोख कोलकाता नाईट रायडर्स पंगड

पूराय करुंक शकलो ना. तांचो डाव १५.१ षटकांत ९५ धावंड्यारुच सोपलो. पंजाब किंग्जच्या युजवेंद्र चहलान बेसबरो खेळ करताना चार गडे बाद केले.

आयज दिल्ली कॅपिटल्स राजस्थान रॉयल्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ  नवी दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात सांजे ७.३०क सुरू जातलो.